# गोंयअस्मिताय दीस घटकराज्य आनी सांस्कृतिक दायजाचो अभिमान
# “जीआय-टॅग प्राप्त उत्पादनांक लागून गोंयची वळख तिगून आसा- मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत

ता. 16 जानेवारी 2026

गोंय अस्मिताय दीस गोंयची खाशेली वळख, इतिहास, घटकराज्य आनी सांस्कृतिक दायजाचो अभिमान आसून गोंय राज्याची ही खाशेली वळख सांबाळून दवरपा खातीर खास करून तरणाट्या पिळगेन ह्या दिसाचे म्हत्व समजून घेवन आनी जागरूक रावन प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा इन्स्टिट्यूटच्या सभाघरांत आयोजीत अस्मिताय दीस कार्यावळींत उलयतना सांगलें.

गोंय सरकाराच्या राजभाशा संचालनालयान गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळ, साळगांव, गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान परिशद, साळगांव तशेंच नियोजन, सांख्यिकी आनी मोलावणी संचालनालय, पर्वरी हांच्या जोड पालवान राज्य पांवड्याचेर “अस्मिताय दीस” कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.

1967च्या इतिहासिक जनमत कौलाच्या उगडासाक राज्य पांवड्याचेर अस्मिताय दीस मनोवपात येता. गोंयच्या लोकांनी जनमत कौलावरवीं गोंय महाराष्ट्रात विलीन करपा आड मतदान करून वेगळे राज्य दवरपाचो निर्णय घेतलो. ह्या निर्णयाक लागून गोंयची वेगळी वळख उरली. हो दीस गोंयकारांचो स्वाभिमान, सांस्कृतिक अभिमान आनी लोकशाय निर्णयाचे प्रतीक म्हूण मनोवपात येता.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, “जीआय-टॅग प्राप्त उत्पादनांक लागून गोंयची वळख तिगून आसा. आमच्या पारंपरिक उत्पादनांक राष्ट्रीय मान्यताय मेळ्ळ्या. गोंयचो सैम आनी पारंपरिक उपजीविका सांबाळून दवरप ही सरकार आनी लोकांची जापसालदारकी आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार डॉ. सावंत हांचे हस्तुकीं जीआय-टॅग प्राप्त उत्पादनां आनी पुस्तकांच्या प्रदर्शनाचे उक्तावण जाले. तशेंच राज्याच्या पारंपरिक दायजाचो सांबाळ करपाक योगदान दिल्ल्या गोंयच्या 15 जीआय-टॅग प्राप्त उत्पादनांच्या उत्पादक अर्जदारांचो सत्कार केलो. जीआय-टॅग प्राप्त उत्पादनांमदी गोंयचो मानकुराद आंबो, हिलारियो आंबो, मुसाराद आंबो, काजू मुट्टे, काजू बियों, बेबिंका, फेणी , सात शिरांचे भेंडे, कोरगुट तांदूळ, खाजे, मयंडोळी केळी, आगशीची वायंगी, ताळगांवची वायंगी, हरमलची मिरसांग, खोलाची मिरसांग ह्या उत्पादनांचो आस्पाव आसा. तशेंच पारंपरिक उपजीविकेच्या वेवसायाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर पारंपरिक मिठागर कामगार आनी हेर पारंपरिक वेवसायिकांक 50,000/- प्रोत्साहन रकमे सयत कौशल्य मित्र कार्ड भेटयले.

ह्या कार्यावळीक मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू, आयएएस; श्री. प्रसाद लोलयेकर, आयएएस, सचीव (अधिकृत भाशा); वरिश्ठ सरकारी

अधिकारी; जीआय-टॅग प्राप्त उत्पादन गटांचे प्रतिनिधी; पारंपरिक वेवसायिक आनी नागरिक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/57

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.